Aakashvani Panaji National news 6.30 pm 28th September 2025

MKB

येवपी सणाचो हंगाम देशी उत्पादनांनी मनवचो आनी व्हॉकल फॉर लोकल मंत्र आपणावचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मारला. आकाशवाणीचेर आपल्या मन की बात कार्यावळींत आपले विचार सांगतना मोदी हांणी सांगलें, की फुडल्या दिसांनी महोत्सव एका फाटल्यान एक येत आसात आनी जीएसटी बचत महोत्सवूय चालू आसा. लोकांनी देशांत तयार केल्लीं उत्पादनां विकतीं घेवपाचो संकल्प करचो असो उलो तांणी मारला.महात्मा गांधी सदांच स्वदेशी आपणावपाचेर भर दिताले आनी तातूंत खादी ही सगळ्यांत म्हत्वाची अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. 2 ऑक्टोबराक खादीचीं उत्पादनां विकतीं घेवन सोशल मिडियाचेर - व्हॉकल फॉर लोकल ह्या हॅशटॅगान शेअर करपाक मोदी हांणी उलो मारला. नविका सागर परिक्रमा वेळार आठ म्हयने दर्यांत रावपी भारतीय नौदलाच्या दोन धाडसी अधिकाऱ्यांच्या पराक्रमाचेर मोदी हांणी भर दिलो. आयच्या मन की बातांत प्रधानमंत्र्यान लेफ्टनंट कमांडर दिलना आनी लेफ्टनंट कमांडर रुपा हांचे कडेन संवाद सादलो. तांणी दाखयल्लें अथांग धैर्य आयकून आपूण खूब खोशी जाला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तांचे कश्ट, येस आनी कामगिरी देशांतल्या तरणाट्यांक, खास करून चलयांक प्रेरणा दितली असो विस्वास तांणी उक्तायलो. मोदी हांणी म्हणलें, मन की बात ह्या 126 व्या भागाक आयज स्वातंत्र्यसेनानी भगत सिंग आनी गायिका लता मंगेशकर हांची जल्मदीस आशिल्ल्यान खाशेलें म्हत्व आसा.

TN

तमिळनाडूतल्या  करूर शारांत राजकी रॅलींत जाल्ल्या चिडदाचिडीत  मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 39 जाला.50 परस चड जखमी लोकांक वेगवेगळ्या हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. 23 परस चड जाणांक आयसीयूंत उपचार सुरू आसात. काल चिडदाचिडीत मरण आयिल्ल्या कुटुंबांक तमिळनाडूचे मुख्यमंत्री एम.के.स्टालिन हाणी 10 लाख रुपया लुकसाण भरपाय दिवपाची घोशणा केल्या. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मरण आयिल्ल्या प्रती  दुख्ख उक्तायलां.

Food

संवसारीक अन्न भारत 2025 आयज नवी दिल्लींत एक लाख कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक वचनबद्धताय दिवन सोंपली, ही भारताच्या अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांतली एक व्हडली घोशणा. चार दिसांच्या ह्या कार्यावळींत 26 मुखेल देशी आनी आंतरराष्ट्रीय कंपनींनी समन्वय पतरार स्वाक्षरी केली. ह्या करारां वरवीं चौसठ हजारां वयर लोकांक थेट रोजगार मेळटलो आनी धा लाखां परस चड लोकांक अप्रत्यक्ष संद मेळटली अशी अपेक्षा आसा अशे अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणला . ह्या गुंतवणुकींत जायत्या राज्यांनी आनी दुदाचे पदार्थ, खाणां, पेयां, मसालो, मिठाई, खावपाक योग्य तेलां, फळां आनी भाजीपालो अशा विंगड विंगड विभागांनी आस्पावता अशें मंत्रालयान उक्तायलें.

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां दीनदयाल उपाध्याय मार्ग नवी दिल्लीत भाजपा कार्यालयाचें उक्तावण करतले. नवरात्रेच्या निमतान हें उक्तावण जाता. दिल्ली भाजपाचे मुखेली वीरेंद्र सचदेव हांणी आयज राष्ट्रीय राजधानींत पत्रकार परिशदेंत ही म्हायती दिली. नवे कार्यालय फकत कामाची सुवात न्हय तर कामगारांत पक्षाची संस्कृताय आनी भावना रुजयता अशें सचदेव हांणी सांगलें. तांणी ह्या उक्तावणाक दिल्लींत पक्षाच्या प्रवासांतलो इतिहासीक खीण म्हणलें.

रशिया

संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ (UNSC) त कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपा खातीर भारतान केल्ल्या प्रयत्नांक रशियेन परत तेंको दिला. संयुक्त राश्ट्रांच्या सार्वत्रिक सभा (UNGA) च्या 80व्या अधिवेशनांत रशियेचे परराश्ट्र मंत्री सर्गेई लावरोव हानि सध्याचे संवसारीक परिस्थितीचें प्रतिबिंबीत करपा खातीर युएनएससींत सुदारणा करपाची गरज आसा अशें स्पश्ट केलें. आशिया, आफ्रिका आनी लॅटीन अमेरिकेंतल्यान प्रतिनिधित्व वाडोवपा खातीर ब्राझीला वांगडा कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपा खातीर भारताच्या यत्नाक रशिया आदार दिता अशें तांणी सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान फुडले तीन ते चार दीस कोंकण, मध्य महाराष्ट्र, आनी गुजरात हांगा उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . आयज मुंबय, उत्तर मध्य महाराष्ट्र, आनी दक्षिण गुजरात सयत उत्तर कोंकणातुय एकसूर्या सुवातींनी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान उक्तायला .

क्रिकेट

क्रिकेटांत आयज दुबयंत जावपी आशिया कप फायनलींत मुखेल प्रतिस्पर्धी भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदीं खेळ जातलो. ही मॅच रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली.